आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरा

Date: 16/10/2025 6.30 PM

50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आंध्र प्रदेशांतल्या कुर्नूलात 13हजार 430 कोटी रुपया मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले.

ताचे पयली प्रधानमंत्र्यानी श्रीशैलमात श्री भ्रामरम्बा मल्लिकार्जुनस्वामी

वर्ला देवस्थानाक भेट दिली. उपरांत ताणी श्री शिवाजी स्पूर्ती केंद्रांत शिवाजी महाराजाच्या इतिहासाची वळख करून दिवपी शिल्पां, प्रतिमा आनी पुतळ्यांची पळोवणी केली. ह्या वेळार आंध्र प्रदेशाचे मुख्यमंत्री एन चंद्रबाबू नायडू आनी पवन कल्याण हाजीर आशिल्ले.

50

मानवी हक्कांची राखण करपा खातीर देशान घटमूट आनी व्यापक चौकटी तयार केल्या अशें आदले राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद हांणी सांगलें. ताणी आयज नवी दिल्लींत राष्ट्रीय मानवी हक्क आयोगाच्या 32व्या स्थापणूक दिसा निमतान कैद्यांच्या हक्कां विशींच्या राष्ट्रीय परिशदेवेळार ते उलयताले . एनएचआरसी ही संवसारांतली मानाची मानवी हक्क संस्था म्हूण विकसित जाल्या अशें तांणी सांगलें.

70

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी लश्करी मुखेल्यांच्या परिशदेंत वांटेकार जाल्या देशांचे लश्करी मुखेल्यांची भेट घेतली . हेवेळार सवसारीक शांतताय आनी स्थिरताये खातीर ताणी संयुक्त राष्ट्रांच्या शांतताय मोहोमानी दिल्ल्या योगदानाची तोखणाय राष्ट्रपतीनी केली.

माजग्ती विदेश मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी आतंकवाद, अर्थीक अस्थिरताय आनी हवामान बदल ह्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर राश्ट्रां मदीं सहकार्य वाडोवपाचेर भर दिलो . नवी दिल्लींत संयुक्त राष्ट्रांच्या मोहिमेत योगदान दिवपी लश्करी मुखेल्यांच्या परिशदेंत उलयतना तांणी सांगलें

35

देशांतल्या सगळ्या गुन्यांवकारांक कायद्याच्या कक्षेत हाडपा खातीर घटमूट यंत्रणा विकसित करतात अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान स्पश्ट केलां. आयज नवी दिल्लींत प्रत्यर्पण आव्हानां आनी रणनिती ह्या विशयाचेर जाल्ले परिशदेचें उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले.

केंद्रीय तपास ब्युरोन दोन दिसांची ही परिशद घडोवन हाडल्या.

45

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें कि  फाटल्या चार वर्सां सावन देशांतली अर्थवेवस्था नेटान वाडत आसा आनी फुडल्या 20 वर्सां खातीर ही गती तिगोवन दवरपाचो हेत आसा. फाटल्या दशकांत 25 कोटी वयर लोक गरिबींरेशेतल्यान भायर काडल्यात, नव्या मध्यमवर्गाक लागून देशाची अर्थवेवस्था घटमूट जाल्या अशें तांणी सांगलें.

35

प्रवाशांची सुविधा वाडोवपाचेर खासा लक्ष दिवन रेल्वे मळर बदल घडोवन हाडपा खातीर सरकारान जायते उपक्रम केल्यात अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. ते  आयज जयपूरच्या खाटीपुरा रेल्वे स्टेशनाचेर वेगवेगळे प्रवासी सुविधांचें उक्तावण करताना उलायताले.

45

केरळाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी आयज तिरुवनंतपुरमांत निवृत्तीवेतनधारकां खातीर ‘स्पर्श आउटरीच’ कार्यावळीचें उक्तावण केलें. संरक्षण लेखा महानियंत्रक हांणी ही कार्यावळ घडोवन हाडली. संरक्षण पेन्शनरांक वेळार फायदे दिवप हो तांचो हक्क न्हय तर अधिकाऱ्यांची जापसालदारकी आसा अशें ताणी सांगलें. तशेच तंत्रगिन्यानाचो वापर करून बेगोबेग सेवा दिवपाचें आवाहन तांणी केलें.

एक कलोवणी आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचकाखातीर अर्ज मागयता. अर्जदार पदवीधर आसपाक जाय कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्जपावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो

हवामान 25

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या सात दिसांत  केरळ, तमिळनाडू, पुडुचेरीतल्या काय वाठारांनी चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेच नैऋत्य मौसमी पावस आयज पुराय देशांतल्यान फाटीं सरला अशी म्हायती खात्यान दिली

स्पोर्ट्स 25

भारताचो लक्ष्य सेन आज डेन्मार्क ओपन बॅडमिंटन सर्तीच्या प्री-क्वार्टरफायनलीत डॅनिश खेळगडो अँडर्स अँटोनसेना आड खेळटलो.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर